प्रादेशिक खबरो

08052025 @  7.20

- ऑपरेशन सिंदूराच्या करवाये विशी अधिक विस्तरान  एअर व्हाइस मार्शल सुनील नानोडकर  हाणी माहिती दिली
- 'ऑपरेशन सिंदूर' हो भारतान सिंदूर पुशील्ल्याचो घेतिल्लो बदलो अशें  मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  म्हणला.
- राज्यांतल्या ट्रांसजेंडर म्हणलयार तृतीय पंथिय व्यक्तीं खातीर आनी भिकाऱ्यां खातीर स्मायल येवजणेखाला गरिमा गृह आसरो घर स्थापन करपाक ३१ मे मेरेन इत्सूक आप वावूरपी संस्थांनी अर्ज करचें अशें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान मागलां
- प्रसार भारतीचो  Waves हो Ott platform चालीक लागला.

ऑपरेशन सिंदूराच्या वेळांवेले हवाई हल्ले व्हड गुप्ततायेन आनी कुशळटायेन केले , सरकार, परराश्ट्र मंत्रालय आनी सशस्त्र दळ हांचेमदीं घटमुट  समन्वय आशिल्लो. 7 तारखेक सुरक्षेच्या तयारी खातीर मॉक ड्रिल म्हणून जाहीर केल्ले हल्ले प्रत्यक्षांत खऱ्या हल्ल्याचें आवरण म्हणून काम करताले. हे कारवायेंत नेमके नियोजन, प्रगत प्लॅटफॉर्म आनी शस्त्रांचो उपेग, दुस्मानाच्या रडाराक दीका भूल करपाक  वेगवेगळया वाठारांनी बनावट हल्ले करप हांचो आस्पाव आशिल्लो. प्रत्यक्ष हल्ल्यांत शिमो हुंपनासतना पल्ल्याच्या स्टँडऑफ शस्त्रांचो  वापर केल्ल्यान हो हल्लो खूब प्रभावी थारलो. अचूकतायेत बालाकोटाकडेन तुळा करपासारकी पूण समन्वयाच्या वेगळया पांवड्यार हे कारवायेक लागून भारताची उण्यांत उण्या कमीत कमी शक्तीसयत घातक, लक्ष्यित हल्ले करपाची तांक दाखयली.

'ऑपरेशन सिंदूर' हो भारतान सिंदूर पुशील्ल्याचो घेतिल्लो बदलो अशें  मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  म्हणला. गोंयांत तशेंच देशांतल्या हेर वाठारांनीय मॉक ड्रिल प्रयोग येसस्वी जाल्ल्याचे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.पहलगामांत आतंकवाद्यांनी 27 जाणांक जीवेशी मारुन तांच्या बायलांक विधवा केलें. तांचें सिंदूर पुसलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतान हाची जाप दिली आनी 9 सुवातींनी आतंकवाद्यांचेर हल्लो केलो. ऑपरेशन सिंदूर हें देश वा धर्मा आड नाशिल्लें. तो आतंकवादाच्या आड आशिल्लें. पाकिस्तानांत आतंकवादी तळ आशिल्ल्यान पाकिस्तान आतंकवाद्यांक पोसतात हें सिद जाला. सोफिया कुरेशी आनी विंग कमांडर रोमिका सिंग हांणी ऑपरेशन सिंदूराचे फुडारपण केलें.

बायलांचो सिंदूर पुसपाच्या कृतीचो हो सूड बायलांनीच घेतलो.ऑपरेशन सिंदूर उपरांत गोंयांत तशेंच देशांतल्या हेर वाठारांनी मॉक ड्रिल जाली. गोंयांतलो मॉक ड्रिल प्रयोग येसस्वी जालो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

राज्यांतल्या ट्रांसजेंडर म्हणलयार तृतीय पंथिय व्यक्तीं खातीर आनी भिकाऱ्यां खातीर स्मायल येवजणेखाला गरिमा गृह आसरो घर स्थापन करपाक ३१ मे मेरेन इत्सूक आप वावूरपी संस्थांनी अर्ज करचें अशें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान मांगलां. भिक मागपी मनश्यांक तशेंच ट्रांसजेंडर व्यक्तींक कांय कारणांक लागून लागींचे मनीस घरा भायर काडटात, तांका रोजगार आनी आसरो दिवपा नदरेन स्मायल येवजणे खाला वावर जाता. अशा लोकांची पुनर्वसणूक करताना तांका अन्न आनी वखदां सोडून आश्रय, कुशळटाय प्रशिक्षण, भलायकी जतनाय, आनी आदार सेवा दितात. ट्रांसजेंडर व्यक्तींच्या हक्कांची राखण करप तशेंच तांचेर जावपी अत्याचार उणें करपाक लेगीत स्मायल येवजण काम करता. पात्र एनजीओ, सीबीओएस, आनी स्टार्ट अप कंपन्यानी ३१ मे मेरेन grants-msje.gov.in ह्या ई-अनुदान पोर्टला वरवीं गरिमा गृह स्थापन करपाक अर्ज करूं येता. सध्या राज्यांत एक्कूय गरिमा घर ना पूण देशांतल्या वेगवेगळया राज्यांनी १२ गरिमा आसरो घरा काम करतात.

अंदूचो सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव 17 मे ते 19 मे मजगतीं फार्मागुडी-फोडें गोंय आभियांत्रिकी महाविद्याल्याच्या मैदानाचेर जातलो , अशें सनातन संस्थेचे प्रवक्ते चेतन राजहंस हांणी पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ही माहिती दिली. ह्या वेळार आर्ट ऑफ लिव्हिंगचे संतोष घोडगे, सांस्कृतीक न्यासाचे जयंत मिरिंगकार, आंतरराष्ट्रीय बजरंग दळाचे नितीन फळदेसाय, कुंडई तपोभूमी पद्मनाभ संप्रदायाचे सुजन नायक, ब्राह्मण महासंघाचे राज शर्मा, जगद्गुरु स्वामी नरेंद्राचार्य महाराजांचे अनुयायी अनिल नायक आनी गोमंतक मंदिर महासंघाचे जयेश थळी हजर आशिल्ले.१७ ते १९ मे मजगतीं फार्मागुडी-फोडें गोंय आभियांत्रिकी महाविद्याल्याच्या मैदानाचेर जावपी 'सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव' हो फक्त धर्मीक न्हय, तर आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार आध्यात्मीक जागृतायेचो महोत्सव थारतलो. २३ देशांतले प्रतिश्ठीत मानेस्त, विवीध संप्रदायांचे संत-महंत, देवळांचे विश्वस्त आनी २५ हजारा परस चड भावीक हातूंत वांटेकार जातले, अशें राजहंस हांणी सांगलें.
हे महोत्सवाच्या उक्तावणाक गोंयच्या मुखेलमंत्र्यांसयत महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री आनी उपमुखेलमंत्री, उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, गुजरातच्या मुखेलमंत्र्यांक निमंत्रण दिलां. महोत्सवांत

जावपी यज्ञयागा खातीर गोंय राज्याक आध्यात्मीक पर्यटन केंद्र म्हूण नवी संवसारीक माची फावो जातली, अशें मत राजहंस हांणी मांडलें.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 12 ते 18 मे 2025 मजगती 10 ते 15 सर्रां पिराय गटातल्याभुरग्यां खातीर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा “व्हिज्युअल कॉमिक स्टोरी बुक” ह्या विशयाचेर एक विशेश कार्यशाळाआयोजीत केल्या. भुरग्यांक कथालेखनाची वळख करून दिवप आनी रंगीत चित्रां आनी उतरांचो वापर करून तांच्यो कथा कॉमिक बुकात रूपांतरीत करप ह्या संकल्पने सयत ही कार्यशाळा आयोजीत केल्या. ह्या सात दिसांच्या कार्यशाळेत व्याख्यान, संवाद, कॉमिक पात्रांची रचणूक आनी विकास, कथा तयार करप, रेखाचीत्रां तयार करप, रंगोवप आनी कथा पुस्तक तयार करपाविशीं मार्गदर्शन करतले. कार्यशाळेत सहभागी जावपी भुरग्यांक आवश्यक कला साहित्य आयोजक दितले.
नाव नोंदणी 7 मे सावन सुरू जालया आणि 12 मे 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळेत सुरू आसतली. सहभाग शुल्क 100 रूपया आनी नोंदणी अर्जा खातीर 10 रूपया अशें नांवापुरते शुल्क आकारले. पयली येवप्याक पयली प्राधान्य तत्वाचेर फकत 30 भुरग्यांक प्रवेश दितले.
सहभाग अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा कार्यालयीन वेळेत उपलब्ध आसात. चड म्हायती खातीर फोन नं. 08322404630/2404633/600 चेर संपर्क करचो.

प्रसार भारतीचो Waves हो Ott platform चालीक लागला. हो platform android तशेंच ios platform चेर उपलब्ध आसा अशी म्हायती ddg आकाशवाणी पणजीचे सुनील भाटीया हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या. सुमार 12 भाशांनी Waves वरवी वेगवेगळे मंच उपलब्धआसा.हांतुनहींदी,गुजराती,english,बंगाली,मरिठी,कन्नड,मल्याळम, ,तेलगु,तामीळ,गुजराती,पंजाबी, तशेंच आसामी ह्या भाशेंचो आसपाव आसा अशी म्हायती ddg आकाशवाणी पणजीचे सुनील भाटीया हांणी दील्या.ह्यावेळार पणजी दुरदर्शन केंद्राचे संचालक शशीन राय,तशेंच दुरदर्शनाचे कार्यावळ अधिकारी सावीयो नोरोन्हा हाजीर आशील्ले.

ह्या ॲपावरवी video on demand, play to play gaming,  65 live TV ,radio, शोपींग, तशेंच हेर मनरीजवणीची माध्यमा  उपलब्ध आसा.

google play store , Apple app store वरवी waves app download करपाक शकता.platinum plan वरवी 999 वर्सुकी जाल्यार 350 रूपया diamond plan वरवी subscribe करपाक शकता.

family entertainment  की नई लहर अशी waves ह्या ott प्लेटफोर्माची संकल्पना जांवन आसा.

महेश 140

राश्ट्रीय सुरक्षा हिताचे नदरेन भारतांत कार्यरत आशील्या  सगळे ओटीटी प्लॅटफॉर्म, मिडिया स्ट्रीमिंग प्लॅटफॉर्म आनी मध्यस्थांक वेब-माळ, चित्रपट, गितां, पॉडकास्ट आनी हेर प्रवाह माध्यम सामुग्री सबस्क्रिप्शन-आधारित मॉडेलर उपलब्ध करून दिले आसू वा ज्यांचे मूळ पाकिस्तानात आसा ते बेगोबेग  बंद करपाचो सललो  म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान दिला म्हायती तंत्रज्ञान (मध्यस्थ मार्गदर्शक तत्वां आनी डिजिटल माध्यम, नीती संहिता) नेम, 2021 (हाचे फुडें आयटी नेम, 2021 म्हण संदर्भित चो भाग-II नेमा  खाला नीतिशास्त्र  संहितेंत अशी तरतूद आसा की प्रकाशकान ह्या  दिल्ल्या घटकांचो विचार करचो..  1 भारताच्या सार्वभौमत्व आनी अखंडतेचेर परिणाम करपी आशय;2. राज्याचे सुरक्षेक धोको निर्माण करपी, धोक्यात हाडपी वा धोक्यांत घालपी सामुग्री,

3 परकी देशां कडेन भारताच्या इश्टागतीच्या  संबंदाक हानिकारक आशिललो  आशय; 4. हिंसाचाराला उत्तेजन दिवपाची वा भौशीक सुवेवस्था राखपाक  आडमेळीं हाडपाची शक्यताय आशिल्ली सामुग्री तशेच "एकचाराक धोको निर्माण करपी खंयचीय म्हायती होस्ट, प्रदर्शित, अपलोड, सुधारित, प्रकाशित, प्रसारित,संग्रहित, वा सामायिक करू नये अशे माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सल्लागार जारी केला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.5 डिग्री सेल्सिअस नौद जाला तर किमान 34.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-36 डिग्री सेल्सिअस कमाल तापमान जाव येता आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसतले अशे वेधशाळेन  कळीत  केला.मजगती  राज्य  आपत्ती  वेवस्थापन  अधिकारीणीन राज्यात सध्या  सुरू आशिल्लो  वताचो  रखरख  आनी गरमेच्या  उबाळापासून लोकांनी  जतनाय घेवपाचो सल्लो दिला.  खास करून लोकांनी आपल्या ल्हान पिरायेच्या भुरग्यांक वा पाळीव

जनावरांक पार्क केल्ल्या गाडयेत सोडून दिवचे न्हय, दनपारची 12.00 ते 3.00 वरा मजगती रखरखत्या वतांत वचपाचे टाळचे, गडद दाट वा घट्ट कपडे घालपाचे टाळचे, भायर उश्णताय चड आसल्यार कश्टाची कामां करची न्हय, दनपारच्या वेळार वताच्या भारार रांदपाचे टाळचे, कुडींतले उदक कमी करपी सोरो, चा, कॉफी आनी कार्बोनेटेड सॉफ्ट ड्रिंग्स पिवपाचे टाळचे. तशेंच चड प्रोटिन आशिल्ले आनी भेळशेल्ले अन्न खावचे न्हय.